16/04/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव 60

देशांतली पयली रेल्वे 16 एप्रिल 1853 दिसा महाराष्ट्रांतल्या बोरीबदर सावन ठाणे मजगती सुरू जाली आयज ताका 172 वर्सां पुराय जाल्यांत ह्या इतिहासीक खिणाचो रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सोशल मिडिया पोस्टांवरवी उगडास केलो . त्या गाडयेंत 14 डबे आशिल्ले आनी तातूंत 400 प्रवासी आशिल्ले अशें ताणी सांगलें. त्या पयल्या प्रवासासावन भारतीय रेल्वे देशाचे सेवेक तयार आसा अशें ताणी मुखर सांगलें.

90

एनडीए सरकाराच्या फाटल्या धा वर्सांच्या काळांत देशांत नुस्त्याचें उत्पादन 95 लाख टन आशिल्लें तें 1.84 लाख टन जालां अशें केंद्रीय नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुद राज्य मंत्री जॉर्ज कुरियन हांणी सांगलां. प्रधानमंत्री मत्स्य संपादन येवजणे खाला आयज पुडुचेरींत जायत्या प्रकल्पांचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. हे येवजणे खाला पुडुचेरींत 2300 नुस्तेमारी बोटींनी ट्रान्सपॉन्डर बसयतले जाकालागून नुस्तेमारांक आपल्या कुटुंबां कडेन संवाद सादपाक, आपत्कालीन वैजकी मदत घेवपाक, आंतरराष्ट्रीय दर्यावेल्या शिमो हुंपतना सुचोवण्यो मेळटल्यो आनी नुस्त्याच्या उपलब्धते विशीं म्हायती मेळटली. किसान क्रेडीट कार्ड येवजणे खाला आतां नुस्तेमारांक पांच लाख रुपया मेरेन रीण घेवंक मेळटलें अशें तांणी मुखर सांगलें.

लाडली बेहना 80

लाडली बेहना येवजण बंद जावची ना अशें मध्य प्रदेश सरकारान स्पश्ट केलां. हे येवजणे खाला दर म्हयन्याक 1250 रुपया दिवपाचे राज्य सरकारान थारायल्या. दर म्हयन्याच्या 10 ते 15 तारखेमेरेन लाडली बेहना येवजणेच्या लावार्थ्यांच्या खात्यांत ही रक्कम जमा जातली अशें राज्य शार उदरगत आनी घरमंत्री कैलाश विजयवर्गीस हांणी सांगलें. भौशीक कल्याणाची खंयचीच येवजण सरकार बंद करचो ना अशें मुख्यमंत्री .मोहन यादव हाणी सांगलां. मुख्यमंत्री मोहन यादव हाणी राज्यांतल्या 1 कोटी 27 लाख लाडली बेहना येवजणेच्या लावार्थ्यांच्या खात्यांत एप्रील म्हयन्या खातीर 1,552 कोटी रुपया जमा केले .

65

संवसारीक बाजारांत अनिश्चितताय आसून लेगीत भारतांतल्या वस्तू आनी सेवांच्या वट्ट निर्यातींत 5.5 टक्क्यांनी वाड जावन एप्रिल-मार्च 2024-25 वर्सा ती  820.93 अब्ज डॉलराचेर पावला अशे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान म्हळा. मंत्रालयान दिल्या केल्ल्या आंकडेवारी प्रमाण देशाची वट्ट निर्यात 820.93 अब्ज डॉलर जाल्यार वट्ट आयात 915.19 अब्ज डॉलर आसा. वेपारी वस्तू निर्यात 437.4 अब्ज डॉलराचेर  पावली, बिगर पेट्रोलियम निर्यातित  6 टक्क्यांनी वाडून वित्तीय वर्स 25 त 374.08 अब्ज डॉलर जाल्या.

80

भारतीय वेंचणूक आयोगान बिहारात जावपी विधानसभा वेंचणुकेची तयारी सुरू केल्या. वेंचणूक आयोगान आयज राज्यांतल्यान बूथ लेव्हल  कार्यकर्त्याखातीर नवी दिल्लींत प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडली . दोन दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यावळींत बिहारांतल्या वेगवेगळया राजकी पक्षांचे  250 वयर बीएलए वाटेकार जाल्यात . मुख्य वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी वेंचणूक आयुक्त डॉ सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ विवेक जोशी हाणी कार्यकर्त्या संबोधीत करतना प्रशिक्षण कार्यावळीक लागून जापसालदारकी कळपाक मजत जातली अशें सांगलें. 43 वांगड्यांची बिहार विधानसभां खातीर अंदूंच्या वर्साच्या निमाणे कडेन वेंचणूक जावपाची शक्यताय आसा.

45

नवी दिल्लीचो इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळ 2024 वर्साच्या संवसारांतल्या सगळयांत चड व्यस्त विमानतळांच्या वळेरेंत धावे सुवातेर पावला. विमानतळ काउन्सिल इंटरनॅशनलान जाहीर केल्ले वळेरे प्रमाण फाटल्या वर्सा ह्या विमानतळा वयल्यान 6.66 अब्ज परस चड प्रवाशांनी प्रवास केला. ही वाड २०२३ वर्साच्या तुळेंत ७.८ टक्के इतली आसा.

80

भारत-उझबेकिस्तान जोड लश्करी कवायत  DUSTLIK- ची सवी आवृत्ती आयज महाराष्ट्रांतल्या पुणेच्या परदेशी प्रशिक्षण केंद्रांत सुरू जाली. 60 जवानांचो आस्पाव आशिल्ल्या भारतीय पंगडाचें प्रतिनिधित्व जाट रेजिमेंट आनी भारतीय वायुसेनेची बटालियन करता.

जीईएम अर्थात गव्हर्नमेंट ई मार्केटप्लेससान २०२४-२५ या र्थिक वर्सा १ लाख ३० हजार कोटी लोकांक भलायकी विमो , जिवीत विमो आनी अपघात विमो दिला अशी माहिती वाणिज्य आणि उद्योजकता मंत्रालयाने दिल्या . जीईएमने १० लाख रोजगार दिला अशे मंत्रालयानं सांगला . जीईएम ग्राहकांक एक सुरक्षित आनी लावकरी व्यासपीठ मेळोवून दिवपक बांदिल आसा अशे जीईएमचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी अजय भादू हाणी म्हळा .

45

नव्या आयकर विधेयकाचेर लोकसभा निवड समितीची नवी दिल्लीच्या संसद घरांत बसका सुरू आसा. भाजपाचे खासदार बैजयंत पांडा 31 वांगड्याच्या पॅनलाचे फुडारपण करतात. संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या पयल्या दिसा समिती आपलो अहवाल सादर करतली. येणावळ कर विधेयक 2025 चो हेतू आयकरा संबंदीत कायद्यांक एकठांय करून तातूंत दुरुस्ती करपाचो आसा.

45

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत राजस्थान आनी गुजरातात उश्णतायेच्या ल्हारांखातीरचो रेड अलर्ट जारी केला. जम्मू काश्मीरांत 18 एप्रील सावन चड पावस पडपाची शक्यताय आसा तशेच ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी झारखंडाचेर अशीच परिस्थिती आसतली अशे आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडेन उलयतना वरिश्ठ शास्त्रज्ञ आरके जेनामणी हांणी सांगलें,.

30

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजवेळा दिल्लींतल्या अरुण जेटली मैदानार दिल्ली कॅपिटल्स आनी राजस्थान रॉयल्स पंगडा मजगती खेल जातलो हो खेल सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातलो